# मुख्यमंत्र्याची कामगारांक आंतरराष्ट्रीय कामगार दिसाची परबीं

ता. 29 एप्रिल 2017
9 वैशाख 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी 1 मे 2017 दिसा मनोवपात येवपी आंतरराष्ट्रीय कामगार दिसानिमतान राज्यातल्या कामगार वर्गाक आपली परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, 'हया दिसा कामगार वर्गाचे समर्पण, परिश्रम आनी यशाचे म्हत्व दिसून येता, जांच्या योगदानातल्यान हया भुयेंचो विकास जाता. देशाचे हित उत्पादन आनी सेवा दिवपाक काम करपी कामगारांचेर अवलंबून आसता, जे वरवीं देशाच्या नागरीकांक फळादीक आनी निरोगी जीण जगपाक मेळटा. हो संवसार मजबूत आनी भरभराटीचो करपाक योगदान दिवपी सगळयां कामगारांच्या प्रयत्नांची हांव तोखणाय करता.

राज्यातल्या कामगार वर्गाचे हित राखपाखातीर आनी तांच्या उदरगतीखातीर राज्य सरकार कटिबध्द आसा, अशें मुख्यमंत्री फुडें म्हणटा.